# Akashvani Panaji Goa Regional Bulletin 7.25am 21.03.24

**वेचणूक आयोगान पयल्या पावंड्यावेल्या वेचणुकेची अधिसूचोवणी जारी केल्याउपरांत कालसावन वेचणूकेच्या पयल्या पावंड्यार उमेदवारी अर्ज भरपाक सुरुवात जाली. ह्या पावंड्यार 19 एप्रिलाक 17 राज्यां आनी चार केंद्रशासित प्रदेशांतल्या एकूण 102 संसदीय मतदारसंघांखातीर मतदान जातले.**

**ह्या महिन्याच्या २७ तारखेमेरेन उमेदवारी अर्ज दाखल करपाक मेळटले. मात, बिहास्साठी महिन्याची २८ तारखेमेरेन उमेदवारी अर्ज भरपाची निमणी तारीख आसा. 28 तारखेल्न अर्जाची छाननी जातली, 30 मार्चमेरेन उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाची निमणी तारीख आसा. तर बिहारात ह्या महिन्याच्या ३० तारखेक अर्जाची छाननी जातली. २५ उमेदवारी फाटी घेवपाची निम तारीख २ एप्रिल आहे. सायाशिवाय सिक्कीम आणि अरुणाचल प्रदेशातील विधानसभा** વેપાળુ એ-લાનેર ભેથી **निवडणुकीसाठीही अधिसूचना जारी करण्यर्यात आल्या आहेत. दोन्ही राज्यांमध्ये १९ एप्रिल रोजी मतदान होणार असून मतमोजणी २ जूनकि सेजी होणार आहे. जानली**

**गाँयां खातीर उमेदवारांच्या खर्चाचेर 75 लाखांची मर्यादा 200**

**लोकसभा वैचणुकेची कार्यावळ जाहीर जाल्ल्यान / राजकी पक्षां कडल्यान प्रचाराक सुरवात जाल्या / प्रचारा खातीर / उमेदवारांचेर खर्चाची मर्यादा आशिल्ल्यान / स्टेज, लावडस्पीकर / बॅनर, फ्लॅग / हांचे दर निश्चित जाल्या. / बसकांच्या लावडस्पीकरा खातीर/दिसाक 3 हजार रूपया प्रमाण हिशोब वेंचणूक आयोग करतलो./**

**उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्यांनी प्रचाराची उपकरणा/तशेंच साधनांचे दर निश्चित करपी अधिसुचोवणी जारी केल्या. / वैचणूक आयोगान / उमेदवारांच्या खर्चाचेर/ खर्चाचेर / 75 लाखांची (गाँयां खातीर) मर्यादा घाल्या.**

उमेदवारांक खर्च करचो पडटलो./ / / ह्या मर्यादे भीतर / वेंचणूक प्रचारा खातीर जाहीर बसका तशेंच | बुथाचेर बसका जातात. हाचे खातीर स्टेज, खुर्च्यो, लावडस्पीकराची वेवस्था करची पडटा. स्टेज वा पोडियमा खातीर / खातीर / 88 रूपया चौखण मीटर 880 प्रमाण खर्चाची आकारणी जातली.

कपड्यांच्या झेंड्यांचो दर 150 रूपया चौमि प्रमाण जाल्यार हेर झेंड्यांचो दर 220 रूपया चौमि प्रमाण 2010 थारतलो. कैलर पोस्टरा खातीर 18 रुपया जाल्यार जार काळ्या धव्या पोस्टरा खातीर / 16 रूपया दर निश्चित जाला. व्हिडियो चित्रीकरणा खातीर दिसाक 3300 रूपया आनी हाय डिजीटल कॅमेराच्या आधारान चित्रीकरणा खातीर दिसाक 3390 रूपया प्रमाण दराची आकारणी जातली.

अल्पहार तशेंच खावपाच्या वस्तुंचे दर निश्चित केल्या. च्याचो दर 15 रूपया कॉफीचो दर 20 रूपया / जाल्यार सामोसाचो दर 15 रूपया निश्चित जाला. एक प्लेट जाला. शिवराक जेवण 125 रुपया/जाल्यार नुस्त्यांच्या जेवणाचो दर 180 रूपया आसा. भाड्यांच्यो गाडयो ड्रायव्हर हांचे दर येरादारी खात्यान निश्चित केल्ल्या प्रमाण आसा. / उदकाची जोडणी, स्टेशनरी, झेरॉक्स हाचे वयल्या खर्चाच्या तपशीलाची लेगीत नोंद जातली.

वेंचणुक नियंत्रण कक्ष १४५

मडगांवा दक्षिण गोंय जिल्होधिकाऱ्याच्या कार्यालयांत वैचणुक नियंत्रण कक्ष चोवीस वरां कार्यरत आसत्से वेंचणुको संबंधीत कसलीय कागाळ आसल्यार विधानसभा मतदारसंघ / आनं तालुक्यां खातीर नियंत्रण कक्षांच्या फोन क्रमांकाचेर कागाळ नोंद करपाक मेळटली.

फोंणें, शिरोडे आनी मडकय विधानसभा मतदारसंघां खातीर / फॉड्डी तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करूंक येता. मुरगांव, दाबोळी आनी कुष्ठ्ठाळी विधानसभा मतदारसंघां खातीर मुरगांव तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करूंक मेळटलो.

नुर्वे, कुडतरी, फातोड़ें, मडगांव, बाणावली, नावेली, कुंकळ्ळी आनी वेळ्ळी विधानसभा मतदारसंघां खातीर साश्टी तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करपाक मेळटलो. जिल्हो वेंचणुक अधिकारी स्थराचेर होच नियंत्रण कक्ष दक्षिण गोंय जिल्हया - खातीर आसतलो.

कॅपें, कुडचडें विधानसभा मतदारसंघा खातीर कैंपें तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करपाक मेळटलो./ सावर्डे विधानसभा मतदारसंघा खातीर धारबांदोडें तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करपाक मेळटलो. सांगे विधानसभा मतदारसंघा खातीर सांगे तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करपाक मेळदलो जाल्यार काणकोण विधानसभा मतदारसंघा खातीर काणकोण तालुको नियंत्रण कक्षांत संपर्क करपाक मेळटलो. तशेंच १९५० हो टोल फ्री क्रमांक राज्य पातळेर कार्यरत आसतलो.

उम्मीद केंद्र UTU

दिल्लींतल्या २४ बाय ७ फावंडेशन हे समाजीक संस्थेन ज्येश्ठ नागरिकांक सुखी जिवीत जगपाक मजत करपा खातीर वेगवेगळ्या सुवातेर जाण्ट्यां खातीर उम्मीद केंद्रां सुरू केल्यात. हे संस्थेच्या वावराचो विस्तार करतना राज्यांतल्या उत्तर गोंयांत आता ही केंद्रां सुरू केल्यांत. होंडा वाठारात सुरू जाल्ल्या ह्या केंद्राचे निमंत्रक रामानंद गांवकार हांणी ही म्हायती दिली. जाण्टेपणांत आपूण एकलेच न्हय हाची जाणविकाय करून वरिश्ठांक एकाच पाख्या सकयल हाडून वेगवेगळ्या गजालींचेर चर्चा करप हो हेत आता साध्य जातलो अशें रामानंद गावकार हांणी सांगलें. उम्मीद केंद्र सुरु करप हें एक व्हडलें काम. हे संस्थेक गरजेची सगळी मजत दिवपाचो यत्न करतले अशें सगुण वाडकार हांणी सांगलें.